**जी-20 बसकेच्या फाटभूंयेर नो पार्किंग/पार्किंग अधिसुचीत**

ता. 20 जुलय 2023

उत्तर गोंय जिल्लो न्यायदंडाधिकाऱ्यान जी-20 बसकेक उपस्थित रावपी प्रतिनिधींचो प्रवास सोयिस्कर जावचो म्हूण तिसवाडी म्हालातल्या गोंय वैजकीय म्हाविद्यालय जंक्शन, बांबोळी ते एनआयओ जंक्शन, दोनापावला, आकाशवाणी केंद्र जंक्शन, बांबोळी ते हॉटेल ग्रॅण्ड हयात, एनआयओ जंक्शन, दोनापावला सावन डॉ.जॅक सिक्केरा मार्ग ते मिरामार सर्कल (दोनीय लेन), हॉटेल मॅरियोट ते कांपाल इंडोर स्टेडियम, पोरण्या गोंयच्या बासिलिका ऑफ बॉम जिजस चर्चो सरभोवतणचो रस्तो, 31 जानेवारी रस्तो, फोन्तेन्हास ते पणजी पोस्ट ऑफिस (जुवांव कॅस्ट्रो मार्ग) रस्त्यांचेर 19 ते 23 जुलय मेरेन सगळ्यां प्रकारच्या वाहनांखातीर "नो पार्किंग' अधिसुचीत केला.

जाल्यार 21 जुलय दिसा कांपाल इंडोर स्टेडियम आनी कला अकादमीकडेन जी-20 बसकेक उपस्थित रावपी प्रतिनिधींच्या वाहनांखातीर पार्किंग जागो राखीव दवरपाचो आदेश दिला. तशेंच 22 जुलय दिसा सांतामोनिका आनी कॅप्टन ऑफ पोर्टस जेटीवयल्यान बोटींची येरादारी तात्पुरती बंद दवरपाची आनी 22 जुलय दिसा कॅसिनोच्या सेवेत आशिल्ल्या बोटीची येरादारी साजेची 5.00 ते रातची 9.00 मेरेन थांबोवपाचो आदेश दिला. जी-20 बसकेच्या प्रतिनिधींच्या सोयिखातीर ही तात्पुरती वेवस्था आसतली.
म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/577

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.